प्रादेशिक खबरो ०४.०८.२०२५ @ ७.20

गोंयच्या सरकारी येवजणेचो लाव घेवपाखातीर स्वतच्या मुळ नावात बदल करपाचे तरतुदींचो गैरवापर केल्लो दिसल्यार कडक कायदेशीर कारवाय जातली अशें मुखेल्मंत्री प्रमोद सावंत हानी सांगला

वापरा विणे पडून अशील्ल्यो सरकारी भौशिक बांधकाम आणि हेर सरकारी खात्याच्यो इमारतीची दखल घेवची अशी मागणी संकल्प अमोणकर हाणी केल्या

पोरणें गोंयां दायज थळाचे शिमे भितर आशिल्ल्या वादग्रस्त बंगल्या वयल्यान सभाघराचें वातावरण तापलें.

गोंय विधानसभेंत ओबीसी नोकरी आरक्षणाचेर प्रस्न आमदार विजय सरेदासय हांणी उपस्थित केलो

रश्मी 110

गोंयच्या सरकारी येवजणेचो लाव घेवपाखातीर स्वतच्या मुळ नावात बदल करपाचे प्रकार गोंयांत रावपी बिगर गोंयकार करपाक लागल्यात . हाका लागुन मुळ गोंयच्या अस्मिताये विंशी प्रस्न उपरासुक लागला अशी सुचोवणी आमदार विरेश बोरकार हांणी आयज विधानसबा कामकाजाच्या वेळार केली. अशा व्यक्तींनी आपले आडनांव पारंपारीक गोंयच्या आडनांवांत बदलपाच्या प्रस्नाचेर आयज विधानसभेत व्हड प्रमाणांत बोवाळ जालो. चडश्या आमदारांनी अशा प्रकरणांचो वाडट्या प्रमाणांत ह्यावेळार हुस्को उक्तायलो .

हाका जाप दितना मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी आडनांव बदलपा संबंदीत सगल्या प्रकरणांचो पुराय नियाळ घेतले, आनी तरतुदींचो गैरवापर केल्लो दिसल्यार अशे करप्यांचेकर कडक कायदेशीर कारवाय जातली अशें सभाघराक

आश्वासन दिलें. सद्याच्या कायद्या खाला आडनांवांत फटींगपणान बदल केल्यार तीन वर्सां मेरेन बंदखणीची ख्यास्त जावंक शकता अशें तांणी सांगले .

डेस्क 270

२००८ ते २०१६ वर्सा मेरेनच्या गोंय राज्य फिल्म महोत्सवा खातीर नियमावली तयार केल्या जातून वाटो घेवपाक पात्रता गोयकार आणि भायले आशील्यान गोयकार फटवतात देखुन हे ८५टक्के गोयकारांक दवरचे अशी मागणी आमदार विजय सरदेसाई हाणी सुन्य वराक केली. हे विशी हातून लक्ष घालता अशे आश्वासन मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हानी दिले

वापरा विणे पडून अशील्ल्यो सरकारी भौशिक बांधकाम आणि हेर सरकारी खात्याच्यो इमारती खास करून हेड लंड सडा हान्गाच्यो इमारती सामक्यो वायट स्तिथीत आसात आणि त्यो हेर समाज विघातक कारवाय करपाचो अडडो जाला देखून थलाव्याक भय पडला अशे शून्य वराक आमदार संकल्प अमोणकर हानी नदरेक हाडले . ताचेर जाप दितना मुखेळ मंत्र्यान हाची दखल घेतल्या आणि पावला उबार्तले अशे सांगळे.

संताक्रूज हंगाच्या MRS सुविधा उबरल्या ताका लागून लोका मदी हुस्को पातळला अशे सांताक्रूझ चे आमदार रुडोल्फ हाणी सांगळे आणि असल्यो सुविधा लोकवस्तीत असुंक फावणा अशे शून्य वराक सभा घराच्या नदरेक हाडले

महेश 150

राज्यांत वीज दर वाडीचो आनी स्मार्ट मीटर लावपाचो प्रस्ताव दिवन गिरायकांक ‘डबल शोक’ दिवपाची सरकारान येवजण आंखल्या अशें विरोधी फुडारी युरी आलेमाव हांणी म्हणले. गोंयांत वीज दर वाडीच्या प्रस्तावाक हांव खर विरोध करतां, वीज दर वाडीक लागून गिरायकांचेर, खास करून घरगुती आनी ल्हान वेवसायांचेर गरजे भायर भार पडटलो अशें म्हाका दिसता. वीज दर वाडीचो आनी स्मार्ट मीटर लावपाचो प्रस्ताव दिवन सरकार गिरायकांक 'डबल शोक ' दिवपाची

येवजण आंखता अशें आलेमाव  हांणी सांगलें. वीज दर कित्याक वाडोवचो न्हय तें सांगून जेआरसीक हांवें पयलींच बरयलां, हे वाडीक लागून जिणेचो खर्च वाडटलो, जाचो परिणाम पयलींच खर्चाचो ताण आशिल्ल्या जायत्या गोंयकारांच्या राहणीमानाचेर जातलो अशें तांणी सांगलें.

वेपारी, उद्देगीक आस्थापनां आनी सरकारी गिरायकां कडल्यान सुमार 600 कोटी रुपयांची देय वसूल करपाक खात्याक अपेस आयलां, वीज खात्यान हे  थकबाकी वसूल करपाचेर लक्ष केंद्रीत करचें, जाका लागून अर्थीक गरजो वेवस्थापन करपाक मदत जावंक शकता. गिरायकांक थाकाय दिवचे परस खातें लोकांच्या जिवितांतल्या अडचणींत भर घालता अशें तांणी म्हणले .

डेस्क 120

पारंपारिक मीठ काडपी आता उणे जाळयात ताचे कारण म्हण्ल्यार शरीकरण, कामगारांचो उणाव, व्हाळ आणि कालवे वाट लागप आणि कमी येनावळ ही आसात अशे आमदार जीत आरोलकर हानी शून्य वराक मत मांडले आणि तांका अनुदानित दरान आधुनिक माकना दीवची आणि हे  पारंपारिक मिठागर वाटोवचे अशे मागले

म्हापशेचे  सहाय्यक निबंधकाच्या कचेरीत वेगवेगळया कामा खातीर लोक्काच्यो घीट्यो पडतात आणि ह्या कचेरीत अशीर सुवात आसा, लोकाक बसपाक जागो ना, सारके यंत्रणा ना, पार्किंग सुवात ना ह्यो गजाली आमदार कारलोस फेरेरा हाणी शून्य वराक सभाघराच्या नडरेक हाडले.

वेगवेगळया सरकारी खात्यान ओरडर दिवन लेगीत मौर्मुगोंवा पोर्ट अधिकारीनीन घाल्ली बेकायदेशीर गेट काडूक ना हे साम्के कायद्याचे उल्लंघन आसा आणि हाचे विशी लोकांक हुस्को जाला कि mpa ही गेट कायमची बंद करून लोकाक वचपाक मनाय करत अशे वास्कोचे आमदार कृष्णा साळकार हाणी नदरेक हाडले.

रश्मी/गणेश 120

पोरणें गोंयां दायज थळाचे शिमे भितर आशिल्ल्या वादग्रस्त बंगल्या वयल्यान सभाघराचें वातावरण तापलें. हो बंगलो मोडून उडोवपाची मागणी करत विरोधकांनी सभापतींच्या आसना कडे धांव घेतली. उपरांत विधनासभेचें कामकाज स्थगीत जालें. कामकाज परत सुरू जावन लेगीत विरोधकांनी ह्या विशयाचेर बोवाळ चालूच दवरलो.

प्रश्नोतर वरां वेळार विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमांव हांणी पोरणें गोंयां वादग्रस्त बंगल्याचेर सरकाराक धारेर धरले. हो विशय म्हज्या खात्याक लागना ते भायर हो विशय न्यायालयांत प्रलंबीत आशिल्ले कारणान हाचेर जाप दिवपाक मेळना अशी जाप पुरातत्व मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी दिली.

दायज थळ वाठारांतल्या बफर झोनांत 54 बेकायदो बांधकामां आयल्यांत. ही बांधकामां आनी हो बंगलो केन्ना मोडटले? असो प्रश्न आलेमांव हांच्या प्रश्नाक हेर विरोधकांणी तेंको दिलो. विरोधकांनी बंगलो मोडात अश्यो घोशणा दिवप चालूच दवरल्यो. ह्या बोवाळा मजगतीं सभापती रमेश तवडकार हांणी विधानसभेचें कामकाज 10 मिनटां स्थगीत केलें.

रश्मी 120

गोंय विधानसभेंत ओबीसी नोकरी आरक्षणाचेर प्रस्न आमदार विजय सरेदासय हांणी उपस्थित केल्लो. ओबीसीची जनगणाना करुन तांका खास आरक्षण दिवचे अशी मागणी तांणी ह्येवळार केली. तशेच सराकरी नोकरींन जाती निहाय जे आरक्षण आसता, त्या प्रमाण नोकऱ भरती कित्यांक जांवक ना असो प्रश्न मांड्लो. गोंयात सध्या पुलिस खते, भलायकी खाते,mts, शिक्षक अशे 8325 पदा आसात, हांतुल्ली 2701 ही आरक्षित पदा आसात, मागीर ती भरपाक सरकार उणो कित्याक पडटा असो प्रसन तांणी केलो.

ह्यावेळार केंद्रान सुरू केल्ल्या जनगणनेंतल्यान राज्यांतल्या ओबीसी आनी हेर राखीव वर्गांतल्या टक्केवारीचें स्पश्ट चित्र मेळटलें, कारण सध्याचो आंकडो निश्कर्शहीन आसा अशें मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

Dip 40

कला आनी संस्कृती संचालनालयावतीन दर वर्सा चवथी निमतान आयोजीत करपी राज्य पांवड्यावयली माटोळी आनी देखावो सजावट सर्त जाहीर केल्या. वैयक्तिक कुटुंबांखातीर माटोळी सजावट सर्त 29 ऑगस्ट ते 1 सप्टेंबर 2025 मेरेन आयोजीत करतले

ह्या सर्तीचे अर्ज कला आनी संस्कृती संचालनालय, संस्कृती भवन पाटो, उपलब्ध आसतले.

स्पोर्ट्स 40

कुठठाळी जिमखान्याची ३७ वि व्ही एम साळगावकार अखिल गोय मुखेल मानाकन टेबल टेनिस सरत आज सावन फातोर्डा सुरु जाली

चेनयत जाल्या अखिल भारतिय अंतर विभागीय टेनिस बोल क्रिकेट सरतितगोय्चो बायला पगड उप विजेते थारलो

गोय विद्यापिठाच्या आंतर महाविद्यालयीन तायक्वनदो सर्तीत केपेच्या सरकरी म्हाविद्यालयाची शरुफा फेर्नान्देस हाणे भागरा पदक जीकले

तापमान 20

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या काय एकसूरया सुवातिनि नेटाचो पावस पडू येता तशेच वारे 40 ते 50 किलोमीटर वेगान व्हावतले असो आदमास वेध शाळेन उकतायला